# बाकरे हांच्या हस्तुकीं मध्य करिअर संवाद कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 19 ऑक्टोबर 2022

मानवाधिकार आयोगाचे अध्यक्ष न्यायमूर्ती (निवृत्त) उत्कर्ष बाकरे हांणी आयज कार्मिक आनी प्रशिक्षण विभाग, भारत सरकार आनी गोंय लोक प्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्था (GIPARD) हांच्या वतीन हॉटेल फर्न कदंबा, पोरणे गोंय हांगा आयोजीत कार्यक्रमात सशस्त्र सेना आनी नागरी सेवा अधिकारी हांच्या 3 दिसाच्या मध्य करिअर संवाद कार्यक्रमाचे उक्तावण केले.

"मानवी हक्क समजून घेवप … सशस्त्र सेना आनी नागरी सेवा अधिकारी हांच्यामदल्या जोड संवादाद्वरवी, अशी संवाद कार्यक्रमाची संकल्पना आसा.

न्या. श्री. बाकरे हांणी मानवी हक्कांचे महत्त्व सांगतना मानवी हक्कांसंबंधीच्या वींगड विंगड मुद्द्यांची खरी वस्तुस्थिती समजून घेवन फुडलो मार्ग काडपाची गरज उक्तायली. प्रशासकीय अधिकाऱ्यांनी आपल्या संबंधीत कामाच्या स्थळार मानवी हक्कांचे उल्लंघन टाळपाखातीर तांका स्वतः मानवी हक्कांचे पुराय ज्ञान आसप गरजेचे आसा. ह्या तीन दिसांच्या संवाद कार्यक्रमातल्यान मानवाधिकारां संबंधीत साबार मुद्द्यांचेर उपस्थितांक प्रबोधन करपाक मदत जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

उक्तावण कार्यक्रमात मिरामारच्या व्ही.एम.साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी "मानवी हक्क" ह्या विशयाचेर एक स्किट सादर केले.

व्ही.एम.साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाचे असोसिएट प्रोफेसर डॉ. संध्या राम आनी मानवाधिकार आयोगाचे सदस्य न्यायमूर्ती (निवृत्त) डेसमंड डिकॉस्ता हे आयच्या दिसाचे रिसोर्स पर्सन आशिल्लें.

कार्मिक खात्याचे विशेश सचीव श्री संजित रॉड्रिक्स, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती मामू हागे आनी GIPARD च्यो पालवी संचालिका श्रीमती सीमा फर्नांडिस ह्या वळार उपस्थित आशिल्ल्यो.

संवाद कार्यक्रमाक आयएएस, आयपीएस, आयएफएस, लश्कर, नौदळ आनी विमान दळाचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

श्रीमती. सिद्धी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

GIPARD चे संचालक श्री मायकल डिसोझा हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/643

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji